# <u>स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्याचो कार्यक्रम</u>

ता. 8 ऑगस्ट 2023

राज्यांत भारतीय स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्याची तयारी नेटान चालू आसून राज्य पांवड्यावयलो स्वातंत्र्य दीस सुवाळो 15 ऑगस्ट 2023 दिसा सकाळी 9.15 वरांचेर पणजे पोरण्या सचिवालयामुखार जातलो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन संचलनाची पळोवणी करतले आनी मानवंदना दितले. उपरांत गोंयच्या जनतेक उद्देशून भाशण करतले.

भारतीय स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्याक मंत्रीमंडळातले वांगडी, विरोधी फुडारी, खासदार, आमदार, उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश, एडव्होकेट जनरल, स्वातंत्र्य सैनिक, नागरीक आनी विद्यार्थी हजर रावतले.

तशेंच मडगांवा जिल्हा पांवड्याचेर जावपी स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात भौशीक बांदकाम आनी विधिमंडळ वेव्हार मंत्री श्री. निलेश काब्राल हे राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले जाल्यार फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर जावपी स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात कृशीमंत्री श्री. रवी नाईक हे राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले.

त्याच वांगडा तालुका पांवड्यावयल्या स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात म्हापशें हांगा पर्यटनमंत्री श्री. रोहन खंवटे, दिवचल हांगा आमदार डॉ. चंद्रकांत शेट्ये, वास्को हांगा येरादारीमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, पेडणे हांगा नुस्तेमारी मंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर, वाळपय आमदार श्रीमती देविया राणे, केपे हांगा उदकास्त्रोत मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर, सांगे हांगा समाज कल्याणमंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय, काणकोणा वीजमंत्री श्री. रामकृष्ण ढवळीकर, धारबांदोडा खेळांमंत्री श्री. गोविंद गावडे हे तिरंगो बावटो हुबयतले.

स्वातंत्र्य दिसानिमतान पत्रादेवी हांगा जावपी कार्यक्रमात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, स्वातंत्र्य सैनिक आनी हेर मानेस्त हुतात्मा स्मारकाक पुष्पांजली ओपतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/620

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.